Panaji National

3rd July 2026

8.40am

भारत आनी जपान हांणी धोरणात्मक तेल साठवणूक वाडोवपाक आनी सागरी वाहतूक सुगम करपाखातीर ऊर्जा भागीदारीची घोषणा केल्या.

अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाच्या फाटभुयेर सरकार फुडल्या एका वर्सांत तेल refining क्षमता वाडोवन वर्साक ३०० दशलक्ष मीट्रिक टनांचेर व्हरतले.

सोळाव्या वित्त आयोगाच्या शिफारशींचेर विचारविनिमय करपा खातीर पंचायती राज मंत्रालय आज नवी दिल्लींत राज्यांच्या पंचायती राज मंत्र्यांची एक राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडटले.

वर्सुकी श्री अमरनाथ यात्रा आज सकाळी जम्मू आनी काश्मीरच्या पहलगाम आनी बालटाल ह्या दोनूय मार्गांतल्यान सुरू जाली.

फिफा सवसारीक करंड सर्तीत पोर्तुगाल प्री-क्वार्टर फायनलीत पावला.

भारतीय क्रिकेट नियंत्रण मंडळान (BCCI) भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं जावपी कसलावपी क्रिकेट माळेचें वेळापत्रक जाहीर केलां.

Energy –

भारत आनी जपान हांणी धोरणात्मक तेल साठवणूक वाडोवपाक आनी सागरी वाहतूक सुगम करपाखातीर ऊर्जा भागीदारीची घोषणा केल्या. दोनूय देशांनी आशियांतले जबाबदार शक्ती आनी मुखेल ऊर्जा वापरपी देश म्हूण ऊर्जा सुगमताक जोड रित्या घटमुट करपाखातीर मेळून काम करपाचो आपलो सामायिक उद्देश दोनूय देशांनी उक्तायला. भारताचें पेट्रोलियम आनी नैसर्गिक वायू मंत्रालय आनी जपानचें अर्थव्यवस्था, व्यापार आनी उद्योग मंत्रालय वेगवेगळ्या उपक्रमांचेर सहकार करतले.

FS -

परराश्ट्र सचीव विक्रम मिसरी हांणी पत्रकार परिशदेंत सांगलें, वर्सुकी शिखर सभेंत अर्थीक सु रक्षे संबंदीत जायते निर्णय निमाणे केल्यात. फाटल्या वर्साचे वर्सुकी शिखर सभे उपरांत 120 परस चड बिझनेस-टूबिझनेस (B2B) सामंजस्य करारांचेर सयो जाल्या अशें तांणी सांगले.

Refinery –

भारत आपली रिफायनरी क्षमतेचो नेटान विस्तार करता अशें पेट्रोलियम आनी नैसर्गिक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलें. ते नवी दिल्लींत एका पत्रकार परिशदेत उलयताले. पुरी हांणी माहिती दिली की, फुडल्या स ते बारा म्हयन्यांत देशाची रिफायनरी क्षमता वर्साक ३०० दशलक्ष मेट्रिक टन मेरेन वाडयतले. १० वर्सांच्या काळाउपरांत पहिली 'ग्रीनफिल्ड रिफायनरी ' स्थापन करतात, अशेंय ताणी सांगलें.

Om Birla –

लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला आयज कोलकातांत अस्तंत बंगाल विधानसभेच्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यां खातीर दोन दिसांच्या मार्गदर्शन कार्यावळीचें उक्तावण करतले. या कार्यावळीचो उद्देश नव्या वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यांक संसदीय आनी वैधानिक कामकाजाच्या वेगवेगळ्या बाबींची वळख करून दिवप आसा, जशें की समिती व्यवस्था, वित्तीय नियंत्रण, संसदीय विशेषाधिकार आनी विधीमंडळांतले उदेपी डिजीटल उपक्रम.

हि कार्यावळ आमदार, पीठासीन अधिकारी आनी संसदीय तज्ञां मदीं संवाद आनी अणभवांची देवाणघेवाण करपा खातीर एक मंच उपलब्ध करून दितलो अशें लोकसभा सचिवालयान सांगलें. या दोन दिसांच्या कार्यावळींत, विधीमंडळाच्या कामकाजाचे मुखेल आंगांचो आस्पाव करपा खातीर तंत्रीक सत्रांची माळ आंखल्ल्या. या उक्तावण सत्राक राज्यसभेचे उपसभापती हरिवंश, केंद्रीय संसदीय कामकाज मंत्री कीरेन रिजीजू, अस्तंत बंगालचे मुख्यमंत्री सुवेंदु अधिकारी आनी हेर मानेस्त हजर रावतले.

Panchayati –

सोळाव्या वित्त आयोगाच्या शिफारशींचेर विचारविनिमय करपा खातीर पंचायती राज मंत्राल य आज नवी दिल्लींत राज्यांच्या पंचायती राज मंत्र्यांची एक राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाड टले. केंद्रीय पंचायत राज मंत्री राजीव रंजन सिंह (ललन सिंह) हांच्या अध्यक्षतेखाला आणि केंद्रीय राज्यमंत्री प्रा. एस. पी. सिंह बघेल हांच्या उपस्थितीत ही कार्यशाळा जातली. या कार्य शाळेत, वित्त मंत्रालयाच्या खर्च विभागान जारी केल्ल्या सोळाव्या वित्त आयोगाच्या ग्रामीण थळाव्या संस्थांच्या अनुदानाच्या अंमलबजावणीच्या मार्गदर्शक तत्वांचेर मुखेलपणान चर्चा जातली.

Chouhan –

'विकसित भारत - रोजगार आनी आजीविका हमी मिशन (ग्रामीण)
[VBGRAMG] कायदो, २०२५' हे देशभरातल्या गांवांच्या विकासाक गती दिवपा खातीर, रोज गार मेळोवन दिवपा खातीर आनी ग्रामीण भागांतली उपजीविका घटमूठ करपा खातीर उख लिल्ले एक व्हड पावल, अशें केंद्रीय ग्रामीण उदरगत आनी शेतकी आनी शेतकार कल्याण मं त्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. केंद्रीय मंत्री शिवराज सिंग चौहान आनी आंध्र प्रदेशाचे मुख्यमंत्री एन. चंद्राबाबू नायडू हांणी काल आंध्र प्रदेशांतल्या तिरुपती जिल्ह्यांतल्या मुक्का वारीपल्ले गांवांत 'VBGRAMG कायदो, २०२५' चे अधिकृत उक्तावण केले. त्या वेळार चौहान उलयताले.

Amarnath –

वर्सुकी श्री अमरनाथ यात्रा आज सकाळी जम्मू आनी काश्मीरच्या पहलगाम आनी बालटाल ह्या दोनूय मार्गांतल्यान सुरू जाली. ही यात्रा २८ ऑगस्टाक, रक्षाबंधन सणाच्या दिसा सोंपतली. यात्रेकरूंचो पयलो पंगड काल कडक सुरक्षा बंदोबस्तांत अनंतनाग जिल्ह्यांतल्या नुनवान आनी गांदरबल जिल्ह्यांतल्या बालटाल ह्या जोड बेस कॅम्पांनी पावलो.

Russia –

युक्रेनांत, रशियान राजधानी किव्हचेर केल्ल्या मोठ्या ड्रोन आनी मिसाईल हल्ल्यांनी 27जाणांक मरण आयलें आनी हेर 90 जाण जखमी जाल्यात. किव्हच्या ३० वेगवेगळ्या सुवातींनी लुकसाण जाल्ल्याची नोंद जाल्या, जातूंत चड करून निवासी इमारती आनी नागरी मुळावी बांदावळचो आस्पाव आसा. युक्रेनान तांच्या नागरी मुळाव्या बांदावळीचेर केल्ल्या लांब पल्ल्याच्या हल्ल्यांक प्रत्युत्तर म्हणून हे हल्ले केल्ल्याचे रशियाच्या संरक्षण मंत्रालयान एका निवेदनात सांगलें.

IMD –

नैऋत्य Monsoon पुराय दिल्ली, गुजरातांतले आनीक कांय वाठार, उत्तर प्रदेशाचो उरिल्लो भाग, मध्य प्रदेश, हरियाणा, पंजाबतले चडशे वाठार आनी राजस्थानच्या कांय वाठारांनी फुडें सरला. हवामान खात्यान फुडले दोन ते तीन दिस गुजरात, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत कांय सुवातींनी दाट उटनगराचो अंदाज उक्तायला. त्याच काळाखातीर छत्तीसगड, दर्यादेगेचो कर्नाटक, राजस्थान, मणिपूर, मिझोरम आनी त्रिपुरा, तमिळनाडू, पुद्दुचेरी, कारायकल, तेलंगणा, उत्तर प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, केरळ, माहे, उत्तराखंड आनी विदर्भांतय हवामानाची अशीच स्थिती उरतली. भारतीय हवामान खात्यान मुंबई, ठाणे, पालघर आनी रायगड खातीर मुसळधार ते अती मुसळधार पावसाची शिटकावणी दित 'ऑरेंज अलर्ट' जारी केला.

FIFA –

पोर्तुगाल फिफा फुटबॉल सवसारीक करंड सर्तीच्या प्री-क्वार्टर फायनलीत पावला. कॅनडाच्या टोरंटो शारांत आयज पोर्तुगालान क्रोएशियाक २-१ अशा फरकान हारोवन निमाण्या १६ पंगडांमदीं सुवात मेळयली. मंगळारा डलासांत जावपी प्री-क्वार्टर फायनलांत पोर्तुगाल स्पेना आड खेळतलो.

Cricket –

भारतीय क्रिकेट नियंत्रण मंडळान (BCCI) भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं जावपी कस लावपी क्रिकेट माळेचें वेळापत्रक जाहीर केलां. ही माळ  15 जुलय ते 27 जुलय मेरेन जातली. पयलो टेस्ट जुलय १५ तारखे सावन गाल आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमचेर जातलो, जाल्यार दुसरो टेस्ट 23 जुलय सावन कोलंबोंत जातलो.